Panaji Regional 19th February 2026 7.25am

Ayush – 90

आयुश मळार संशोधन, सहकार आनी भलायकी पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपाक गोंय सरकार बांधील आसा अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें आयुर्वेदीक उपचार पद्दत ही फकत पारंपरीक उपचार पद्दत न्हंय जाल्यार दुयेसाक प्रतिबंद करपा सयत उपचार करपा खातीरची ती एक प्रभावी पद्दत आसा. हे पद्दतीचो हे फुडें आनीक विस्तार जातलो, अशें मुखेलमंत्री सावंत हांणी सांगलें. अबु धाबी हांगा आयुश परिशदेंत ते उलयताले. गोंयांत उपचारां सयत आयुर्वेद उपचार पद्दतीचेर संशोधन सुरू आसा, अशें ताणी मुखार सांगलें. आयुश उपचारांचो अणभव घेवपा खातीर संवसारभरांतल्या पर्यटकांक आकर्शीत करपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशी म्हायती ताणी दिली.

८५

गोंय पर्यटन खातें, माहिती आणि प्रसिद्धी खाते गोंय सरकार, दिवचल नगरपालिका आनी शिक्षा विजन दिवचल ह्यांच्या जोडपालवान आज 19 फेब्रुवारी 2026 या दिसा दिवचले राज्यपावडयार सरकारी शिवजयंती सुवाळो आयोजित केला .ह्या वेळार दीसभर वेग वेगळ्यो कार्यावळी आयोजित केल्यात. मुखेल कार्यावळ सांजे साडेसात वरांचेर जातली. या सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे,कला आनी संस्कृतिमंत्री रमेश तवडकर, दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आनी हेर मानेस्त हजर आसतले. ह्या कार्यावळीत महाराष्ट्राची लोकधारा ही सांस्कृतिक कार्यावळ जातली.

70

छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जयंती निमतान आज १९ फेब्रुवारी २०२६ दिसा सांखळेत तरेकवार सांस्कृतिक कार्यक्रमाचें आयोजन केला.

हे निमतान भव्य बाईक रॅली जातली. नेवेली जंक्शन हांगासर सांजवेळ 4 वरांचेर रेली सुरू जातली.तेंचप्रमाण विंगड विंगड सांस्कृतिक कार्यावळी जातल्यो.या सुवाळ्याक

मुखेल सोयरे म्हुण  मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, नगराध्यक्ष सीद्धी प्रभू ,विंगड विंगड पंचायतींचें सरपंच हजर आसतले.सगळ्यांनी व्हडा संख्येन उपस्थित रावन शिवजयंती उत्सव उत्साहान साजरो करपाखातीर सहकार्य करचें  अशें आवाहन आयोजन समीतीन केला.

65

पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला मडगावा कुशलताय उदरगत आनी सुविधा केंद्र स्थापन करपाचो प्रयत्न चालू आसा अशी माहिती भौषिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हाणी दिली.  मडगावा पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला राज्य पांवड्यावेल्या प्रदर्शन आनी वेपार मेळाव्याचें उक्तावण काल फातोर्डाच्या एसजीपीडीए मैदानार जालें. ह्या वेळार ते मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. हें प्रदर्शन आनी वेपार मेळावो सकाळीं 10 ते रातीं 8 मेरेन 22 फेब्रुवारी मेरेन उक्तो आसतलो.

40

दिवचल मालातल्या आनी साखळी मतदारसंघातल्या कुडणे ग्रामपंचायतीचे नवे सरपंच म्हुण दामोदर उर्फ दामू पेटकर हांची बिनविरोध निवड जाल्या .आदले सरपंच राजन फाळकर हाणीं सामंजस्य करारानुसार दिल्या राजीनाम्या उतरांत सरपंच पदाची सुवात रीती आसली.या पदाखातीर दामोदर पेटकर हांची बिनविरोध निवड जाल्या.

जाण 80

गोंय शालांत मंडळान केंद्रीय तंत्रीक शिक्षण संस्थेच्या पालवान राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षकां खातीर रोबोटीक्स आनी 'कृत्रीम बुद्धीमत्तेचो शिक्षणात उपेग 'ह्या विशयाचेर ऑनलायन प्रशिक्षण कार्यावळ आंखल्या. ही प्रशिक्षण कार्यावळ २४ फेबुवारी मेरेन चालू उरतली. आज  १९ तारखेर - डीमिस्टीफाईंग आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स , २३फेब्रुवारी - फंडामेंटल ऑफ रोबोटिक्स आनी २४फेब्रुवारी दिसा - एआय इन एव्हरीडे लाइफ अशें वेगवेगळ्या विषयाची शिक्षकांक म्हायती दितले. माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक संगणक शिक्षकांनी तशेंच हेर विषयांच्या शिक्षकांनी ह्या

ऑनलाइन कार्यशाळेत सहभागी जावंच अशें आवाहन गोंय शालांत मंडळान केलां
Conclave – 50

पांचवी गोंय सागरी परिशद शेनवारा 21 वेर बेतीवेरेच्या नौदल युद्ध महाविद्यालयात जातली. गोंयच्या नौदल युद्ध महाविद्यालयाचे commandant रियर एडमिरल अर्जुन देव नायर हांणी हे विशी म्हायती प्रसार माध्यमांक दिली .bytes 30 sec संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हे परिशदेचे मुखेल सोयरे आसतले .जाल्यार नौदलाचे मुखेली एडमिरल दिनेश त्रिपाठी ह्या परिशदेची येजमानकी चलयतले.

Weather – 40

फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 21 ते 22 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. राज्यांतल्या काय सुवातींनी सकाळी मध्यम प्रमाणात धुके पडपाची शक्यताय आसा.

Sports – 40

केरळान बुधवारा वरिश्ठ बायलांच्या वन डे ट्रॉफी एलीट क्रिकेट सर्तींत गोंयाक 102 धांवड्यांनी हारयलें. पयली बॅटींग करतना केरळान 47.5 ओव्हरींनी 282 धांवड्यो काडल्यो. ताका जाप दितना गोंयचो डाव 45.3 ओव्हरींत 180 धांवड्यांचेर सोंपलो. ही मॅच रांचीच्या जेएससीए इंटरनॅशनल स्टेडियम कॉम्प्लेक्सांत जाली.